04.02.2025 7.20 pm

- केंद्रीय अर्थसंकल्पात marinetime खातीर तजवीज केल्ल्या नीधीक लागुन  गोंयची blue economy घटमुट करपाक मजत जातली ,तशेंच शिपींग,बंदर,नुस्तेमारीक लेगीत हाका लागुन फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- कोंकणी भाशेचो वारसो नेणट्यांनी फुडे वरपाक जाय,सरकार कोंकणी भाशेखातीर वेगवेगळ्यो येवजण्यो राबयता,ह्या येवजणेचो लाव घेवन कोंकणी भाशेक समृद्ध करपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- पणजी स्मार्ट सिटीचे 35 प्रकल्पामदले 26 प्रकल्पाचे काम पुराय जाला अशी म्हायती स्मार्ट सिटी प्रकलल्पाचे मुखेल अधिकारी संजित रोड्रीग्स हांणी दिल्या.

Rashmi 105

केंद्रीय अर्थसंकल्पात marinetime खातीर तजवीज केल्ल्या नीधीक लागुन गोंयची blue economy घटमुट करपाक मजत जातली ,तशेंच शिपींग,बंदर,नुस्तेमारीक लेगीत हाका लागुन फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ल्हान तशेंच मध्यम उद्देग खातीर रीणाच्या स्वरूपात credit सुविधा,digital मळाक घटमुट करपाक साधन सुविधा उबारप,मनीस कुशळटाय,पर्यटन,भलायकी,आदीवासी कल्याण,पर्यटन थळांची उदरगत,heal in india, Air cargo येरादारी घटमुट करप ,बंदरावेल्यान pharma export अशे महत्वाचे निर्णय बारीकसाणीन विचार करून घेतल्यात ,हाका लागुन वित्त मंत्री निर्मला सीतारामन हीणे सादर केल्लो हो अर्थसंकल्प सर्वसामान्यांचो विचार करून एक समतोल आशिल्लो अर्थसंकल्प जांवन आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.ह्या सगळ्या निर्णयाचो गोय राज्याक फायदो जावन रोजगार तशेच येनावण मेळपाक हातुल्यान मजत जातली अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला. पणजी स्मार्ट सिटीचे 35 प्रकल्पामदले 26 प्रकल्पाचे काम पुराय जाला अशी म्हायती स्मार्ट सिटी प्रकलल्पाचे मुखेल अधिकारी संजित रोड्रीग्स हांणी दिल्या. काय प्रकल्पाचे काम 31 मार्ज मेरेन पुराय जातले अशें तांणी ह्यावेळार सांगला. स्मार्ट सिटी प्रकल्पावरवी सुरु आशिल्या कामाचो नियाळ दिवपाक घेतिल्लया पत्रकार परीशदेते ते उलयताले.

Rashmi 130

कोंकणी भाशेचो वारसो नेणट्यांनी फुडे वरपाक जाय,सरकार कोंकणी भाशेखातीर वेगवेगळ्यो येवजण्यो राबयता,ह्या येवजणेचो लाव घेवन कोंकणी भाशेक समृद्ध करपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.कोंकणीच्या साहीत्यान आनीक भर पडपाक जाय त्या दीखून साहीत्यिकांनी काम करचे अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला

गोंय कोंकणी अकादेमी वतीन 38 वो राजभास दीस आनी कोंकणी साहीत्य आनी भाशा सेवा पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याचे आयोजन केल्ले.त्यावेळार मुखेलमंत्री मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्यावेळार दील्ली साहीत्य अकादेमीची उपाध्यक्षा प्रो.कुमुद शर्मा,राजभाशा सचीव प्रसाद लोलयेकार,राजभाशा संचालनालयाचे संचालक प्रशांत शिरोडकार,गोवा कोकणी अकादमीचे सचीव पराग नगर्सेकार, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. भारत हो भौभाशिक देश,मात globalisation च्या काळात भारतातल्यो सुमार 2500 भाशा लुप्त जायत चल्ला अशे युनेस्कोची नोंदी म्हणटा,आमच्यो भाशा आमका आमच्या संस्कृतायकडे,इतिहासाकडे,लोकजीणेकडे जोडटा तशेंच देशाचो एकचार तिगोवन दवरता अशे मत कुमुद शर्मा हीणे ह्यावेळार व्यक्त केला.भाशेची जपणुक म्हळ्यार स्वःअस्तीत्वाची जपणुक अशे तीणे ह्यावेळार खासा नमुद केला.

Sushant 120

गोंयांत मादक पदार्थ विरोधी कारवाय करतना कोलवा पुलिसांनी दोन गांजा पुरवणदारांक अटक केल्या. अटक केलल्या दुबावितांची नांवां राकेश मेघवाल आनी सागर पाणीग्रही अशी आसून ह्या दोगांकय उदयपूर आनी उडिशा हांगासावन अटक करुन हाडल्यात. ही कारवाय कोलवा पुलिसांनी केली अशी म्हायती दक्षिण गोंयचे पोलीस अधीक्षक टीकम सिंग वर्मा हांणी आयज मडगांवां घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत दिली. ह्या दोनूय दुबावितांक चार दिसांच्या पोलीस कोठयेचाे रिमांड दिला.ह्या आदी काेलवा पुलिसांनी २९ डिसेंबर ह्या दिसा केल्ले कारवायेत सोनू कुमार चौहान हाका अटक करुन ताच्याकडल्यान 2.40 लाख रुपयांचो गांजा जप्त केल्लो. दुसरी कारवाय १२ जानेवारीक केल्ली. त्यावेळार विनायक चाैहान हाका अटक करुन ताच्याकडल्यान ३.०८ लाख रुपयांचो गांजो जप्त केल्लो.

Subhash 60

भलायकी चड बरी ना जातकच वा रोग बरो जावपाची शक्यताय साप्प उणी जातकच खंयच्याय मनशाक बरेंच त्रास सोसचे पडटात. हो निमणो खिण सुसह्य जावंचो म्हूण अश्या दुर्येतींक भलायकेची राखण करपी आनी जातात त्यो वेदना उणो करपी उपचार जाय आसतात. अशी भलायकी सेवा दिवपी खासा पॅलियेटीव्ह केंद्रांक मजत करपी आर्थिक येवजण राज्य सरकारान चालीक लायल्या. समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी हें विशी म्हायती दिली.

Santosh 100

मुरगांव बंदरातल्या उड्डाण पुलाक जोडपी मार्गार घातिल्ली गेट मुरगांव बंदर प्रधिकरणाक काडचीच पडटली म्हणपाची शिटकावणी वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या.

मुरगांव बंदराक जोडपी नव्या उड्डाण पुलाचें एक सप्तका पयली केंद्रीय रस्तो आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांचे हस्तुकी जालें आनी दुसरेच दिसा बायणातल्यान त्या पुलाक जोडपी मार्गाचेर मुरगांव बंदर प्रधिकरणान गेट घाली. ताका लागून फुडाराक बायणातल्या लोकांक हो मार्ग बंद जावपाची भिरांत उप्रासल्या. हालीच ह्या विषयाचेर नगराध्यक्ष गिरीश बोरकारान तिडक उक्तायल्ली. ह्या विषयाचेर उलयताना आमदार साळकार हाणे म्हळा, की आपणें हो प्रश्न मुखेलमंत्र्या मुखार मांडला आनी मंत्र्यान हातून लक्ष घालून तो सुटावो करपाचें उतर दिला

Ganesh 130

आमची कोंकणी भास सुरक्षीत दवरपा खातीर फुडले पिळगेक कोंकणी भास उलोवपाक, वाचपाक उर्बा दिवपाक जाय. कोंकणी राजभास दिसाचें म्हत्व तांणी जाणून घेवपाची गरज आसा, अशें मत कला संस्कृती संचालक सगुण वेळीप हांणी उक्तायलें.

पणजे कृष्णदास श्यामा मध्यवर्ती ग्रंथालय आनी कला संस्कृती संचालनालय गोंय हांच्या जोड पालवान संस्कृती भवनांतल्या कला दालनांत सोमारा कोंकणी राजभास दीस आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्ले साहित्यीक रवींद्र केळेकार, तशेंच साहित्य अकादमी पुरस्कार मानेली मनोहरराय सरदेसाय हांची

जल्मशताब्दी अशी जोड कार्यावळ जाली. ह्या वेळार माचयेर ज्येश्ठ कवी प्रकाश नायक, लेखिका तशेंच चित्रपट निर्माती ज्योती कुंकळकार, रवींद्र केळेकार हांचे पूत गिरीश केळेकर, मनोहरराय सरदेसाय हांचे पूत सुनील सरदेसाय, ग्रंथालयाची अभिरक्षक सुलक्षा कोळमुळे, प्रशांत फडते आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.
प्रकाश नायक हांणी घटक राज्य, राजभास आनी कोकणीचो आठव्या परिशिश्ठांत आसपाव ह्या आंदोलनाची सविस्तर म्हायती सांगून तातूंत रवींद्र केळेकार आनी मनोहरराय सरदेसाय हांच्या योगदानाचो उल्लेख केलो.

Rashmi 65

पणजी स्मार्ट सिटीचे 35 प्रकल्पामदले 26 प्रकल्पाचे काम पुराय जाला अशी म्हायती स्मार्ट सिटी प्रकलल्पाचे मुखेल अधिकारी संजित रोड्रीग्स हांणी दिल्या. काय प्रकल्पाचे काम 31 मार्ज मेरेन पुराय जातले अशें तांणी हयावेळार सांगला. स्मार्ट सिटी प्रकल्पावरवी सुरु आशिल्या कामाचो नियाळ दिवपाक घेतिल्लया पत्रकार परीशदेते ते उलयताले. रस्त्याची चडशी कामा 31 मार्च मेरेन जातली, तशेचं लॅण्डस्केपींग, फुटपाथ, रंगकाम ही कामा 30 जुन मेरेन जातले अशी म्हायती तांणी दिल्या.

Desk 50

आकाशवाणी पणजेच्या सप्तुकी Live Phone -in कार्यावळीत , आयच्या संसारिक काक्र दिसानिमतान, फाल्या दनपरा अस्तुरी कार्यावळीत 12.05 ते 1 हे मजगती तुमकां आयकूक मेळटलो, गोंयचे नामनेचे कॅन्सर सर्जन डॉ. शेखर साळकार हांचेकडेन डॉ. शकुंतला भरणे हाणी सादिल्लो संवाद. फोन करून आपलो प्रस्न विचारपाखातीर संपक क्रमांक - (0832)2224457 आनी 2421285*

Subhash 125

गोंय शिक्षण उदरगत महामंडळान संत सोहिरोबानाथ आंबिये ज्ञानवृध्दी शिश्यवृत्ती बर्सरी येवजणेखातीर पात्र विद्‌याथ्यांकडच्यान अर्ज मागयल्यात. २०२३-२४ आनी २०२४-२५ अश्या दोनूय शिक्षणिक वर्सांखातीर लाव घेवपाक पात्र आशिल्या विद्‌याथ्यांनी अर्ज करचे अशें गोंय शिक्षण उदरगत महामंडळान मांगलां. गोंयच्या शिक्षणीक संस्थांनी शिकपी आनी कुटुंबांची वर्सुकी अर्थीक येणावळ ५ लाख रूपया सकयल आशिल्ल्या विद्‌याथ्यांक हे येवजणे खाला ४०,०००/- रूपया मेरेन अर्थीक मजत मेळटा. धावी उपरांत पदवी अभ्यासक्रम,

बारावी उपरांत पदवी अभ्यासक्रम आनी पदवी उपरांत पदव्युत्तर अभ्यासक्रमाचे शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यी हे येवजणे खाला अर्ज करपाक शकतात. पात्रतायेचे निकश पुराय जातकच हे अर्ज ग्राह्य धरतले.

Rajashri 270

गोंयच्या सर्वसमावेशक भलायकी जतनाय घेवपाच्या आदर्श मॉडेलाचें एक मुखेल उदाहरण म्हळ्यार गोंय सरकाराच्या भलायकी सेवा संचालनालयान कॅन्सराचें निदान आनी उपचार करपाक दिल्लो मुखेल व्हड उपाय येवजण. 4 फेब्रुवारी संवसारीक कॅन्सर दिसा निमतान राज्यान आपल्या नागरिकांक अत्याधुनिक आनी सर्वोत्तम उपाय दिवपाची वचनबद्धताय परत खात्री दिल्या.

कॅन्सर हो एक रोग ज्याचे नाव जरी घेतले तरी संवसारभरांतल्या लोकांच्या मनांत भंय निर्माण जाता. हो रोग शेंकड्यांनी वर्सांपासून लोकांमदीं हुस्कोचो विषय जावन आसा. कॅन्सराचेर मात करपा खातीर जागृताय आनी आळाबंदा हाडप हे सगळ्यांत बरे पर्याय अशें शास्त्रज्ञांनी स्पश्ट केलां. देखून संवसारभर कॅन्सरा विशीं जागृताय करपाचे खाशेले यत्न सुरू आसात. भारतांतल्या सगल्या राज्यां मदीं कॅन्सरा विशीं जागृताय निर्माण करपाच्या आनी अभिनव उपाय चालीक लावपाच्या मळार गोंय मुखार आसा अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी म्हणला. आतां मेरेन  राज्यात कॅन्सराचें निदान करपा खातीर मोबायल कॅन्सर व्हॅन सुरू केल्ल्या, आतां मेरेन कॅन्सराचें निदान करपा खातीर सुरू केल्ल्या मोबायल कॅन्सर व्हॅनांतल्यान 2,794 जाणांची तपासणी जाल्या.निरोगी बायलो, निरोगी  गोंय' (एस एम एस जी) प्रकल्पः राज्यांत आयब्रेस्ट परीक्षण करता, ह्या साधनाच्या आदारान स्तनाच्या कॅन्सराचें निदान करपा खातीर हो प्रकल्प 26 ऑक्टोबर 2021 दिसा सुरू जालो. युवराज सिंग फावंडेशन, भलायकी सेवा संचालनालय, यु लायफ सायन्सेस आनी एसबीआय फावंडेशन हांच्या सहकार्यान हो प्रकल्प चालीक लायला.स्तन कर्करोग तपासणी शिबिर आयोजित केल्यात, शिक्षणीक संस्था, एनजीओ, धर्मीक गट, स्वयंसेवी स्वताची मजत करपी गट आनी उद्देगधंदे हांच्या सहकार्यान स्तनाच्या कॅन्सराची तपासणी शिबिरां घडोवन हाडटात. फुफ्फुस कर्करोग ही सुविधा उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, उपजिल्हो हॉस्पिटल, तशेंच जायत्या प्राथमीक भलायकी केंद्रांनी उपलब्ध आसा. गोंयचें भलायकी सेवा मॉडेल हेर राज्यां खातीर आदर्श जावपाक लागलां. अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी म्हणला

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस  मिनटांचेर. नमस्कार